**ऑनलायन पर्यावरण डेटा मॉनिटरिंग कूड आनी तंत्रज्ञान माहिती केंद्राचे उक्तावण**

ता. 6 सप्टेंबर 2023

पर्यावरण मंत्री श्री. नीलेश काब्राल हांणी आयज साळगांव हांगा गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळान आयोजीत कार्यक्रमात ऑनलायन पर्यावरण डेटा मॉनिटरिंग रूम आनी तंत्रज्ञान माहिती केंद्राचे उक्तावण केले .

श्री काब्राल हांणी गोदरेज कंज्युमर प्रॉडक्ट्स लिमिटेड कंपनीन गोंय प्रदूशण नियंत्रण मंडळ, मिनरल फाउंडेशन ऑफ गोवा आनी संपूर्ण(ई)अर्थ एन्व्हायर्नमेंट सोल्युशन्स हांच्या सहकार्यान "सिम्पलीफायिंग पोस्ट कंज्युमर रीसायक्लेट्स: आव्हानां आनी संधी" ह्या विशयाचेर आयोजीत परिशदेचेय उक्तावण केले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. काब्राल हांणी म्हणलें, की जर आमी आमच्या उपभोक्त उत्पादनांतल्या चडांत चड प्लास्टिकचो पुनर्वापर करपाच्या दिकेन काम केले जाल्यार गोंय हे उर्वरीत देशाखातीर आदर्श थारपाक शकता. गिरायकांक आपल्या जबाबदारीची जाणीव करून दिवपाच्या उद्देशान विधानसभा अधिवेशनात डेपोजिट रिफंडेबल येवजणेक मान्यताय दिल्ल्याचे तांणी सांगले. श्री. काब्राल हांणी गोंय कोयर वेवस्थापन कार्यक्रमाचो भाग जाल्ले खातीर गोदरेज कंज्युमर प्रॉडक्ट्स प्रा. लिमिटेडचे उपकार मानले.

गोदरेज इंडस्ट्रीज लिमिटेड आनी असोसिएट कंपन्यांच्यो सीएसआर गायत्री दिवेचा, गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळाचे अध्यक्ष महेश पाटील, पर्यावरण खात्याचे सचीव श्री. अरुणकुमार मिश्रा आनी केंद्रीय प्रदूशण नियंत्रण मंडळाचे वांगडी सचीव डॉ. प्रशांत गारगव हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

ह्या वेळार एकात्मिक कोयर वेवस्थापन कार्यक्रमा खातीर गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळ, गोंय कोयर वेवस्थापन महामंडळ, गोदरेज कंज्युमर प्रोडक्ट्स लिमिटेड, संपूर्ण(ई)अर्थ एन्व्हायर्नमेंट सोल्युशन्स आनी मिनरल फाउंडेशन ऑफ गोवा हांच्यामदी समजीकाय कबलात जाली. ह्या कबलाती प्रमाण दिवचल आनी सत्तरी तालुक्यातल्यो 3 नगरपालिको आनी 30 पंचायत क्षेत्रांतलो शंभर टक्के कोयर एकठाय करप आनी 80 टक्के कोयराचे विलगीकरण करपाचे उद्दीश्ट आसा.

कार्यक्रमाच्या निमाणे गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळाच्यो वांगडी सचीव डॉ. शमिला मोंतेरो हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/703

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.